**बारां, पब्सांनी रातची 11.00 मेरेन सोरो विकपाक मेळटलो**

ता. 3 फेब्रुवारी 2022

उत्तर गोंय जिल्हाधिकाऱ्यान वेंचणूक आचारसंहिता लागू आशिल्ल्या काळांत सगळीं सोऱ्याची बारां, पब्स, क्लब्स, दुकांना, शॅक्स वा खंयच्याय सोरो विक्री आस्थांपनांनी प्रत्येक दिसा रातच्या 11.00 वरांचेर सोरो विक्री बंद करपाचो आदेश जारी केला. पुण कायद्याप्रमाण जी आस्थांपनां, प्रोव्हिजन स्टोअर, आदी रातची 11.00 वरांपयली बंद करपाची गरज आसा तांकां हो आदेश लागू ना.

वेंचणूक आचारसंहिता लागू आसा मेरेन पुराय उत्तर गोंयांत बारां, पब्स, क्लब्स, दुकांना, शॅक्स वा खंयच्याय सोरो विक्री आस्थांपनांनी प्रत्येक दिसा रातची 11.00 मेरेन सोऱ्याची विक्री बंद करपाक जाय. ह्या आदेशाचे उल्लंघन करपी आस्थांपनांआड अबकारी खात्याच्या भरारी पंगडा कडल्यान कायदेशीर कारवाय जातली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/91

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji